# गोवा कोंकणी अकादेमी
## पणजी– गोंय
## येवजणेचें नांव : बालसाहित्य प्रकाशन
## ( बालसाहित्य प्रकाशनाक 70% अर्थीक पालव )

अंर्जीपत्र –( 2023 - 2024 )

1. लेखकाचें नांव आनी पत्तो : ---------------------------
---------------------------
---------------------------

2. प्रकाशकाचें नांव आनी पत्तो : ---------------------------
---------------------------

3. साहित्य प्रकार : ---------------------------
4. हातबरपाचें नांव : ---------------------------

5. पत्रवेव्हाराचो पत्तो आनी फोन नं. : ---------------------------
---------------------------
---------------------------

* हांवें हे येवजणेची नेमावळ वाचल्या आनी ती म्हाका मान्य आसा.

तारीख : -------------- ------------------------

अर्जदाराची सय

( अर्जीपत्र पावपाची निमणी तारीख :--5/10/2023--- )

* अर्जीपत्रा सांगाताक जोडल्यात.

1) हातबरपाच्यो टायप केल्ल्यो तीन प्रती
2) लेखकाचें मान्यताय पत्र
3) खात्रीपत्र

---------------------------------------------------------

--------- कार्यालयाखातीर ---------------

## गोवा कोंकणी अकादेमी

### पणजी– गोंय

### येवजणेचें नांव :  बालसाहित्य प्रकाशन

### (  बालसाहित्य  प्रकाशनाक 70% अर्थीक पालव )

* येवजणेचें वर्स : 2022- 2023
* येवजणेचो उद्देस : बालसाहित्य प्रकाशनाक उत्तेजन दिवप.

**येवजणेचे नेम :**

1. हे येवजणेखाला बालसाहित्याचीं पुस्तकां प्रकाशन करपाखातीर प्रकाशकांकडल्यान तशेंच लेखकाकडल्यान अकादेमी अर्ज स्विकारतली.
2. हे येवजणेखाला निवड जाल्ल्या पुस्तकाच्यो 500 प्रती छापपाक अकादेमी छापणावळीच्या खर्चाच्या 70% रक्कम अर्जदाराक दितली.
3. अकादेमीची साहित्य निवड समिती हातबरपां छापपाखातीर शिफारस करतली.
4. हे येवजणेखाला अकादेमीकडेन सादर केल्लें हातबरप टायपसेट केल्लें आसूंक जाय. हातान बरयिल्ले हातबरप तशेंच छापील कात्रणांच्या प्रतींचो विचार जावचो ना. तशेंच अर्जा वांगडा हातबरपाच्यो तीन प्रती सादर करपाक जाय.
5. पुस्तकाचीं छापील पानां कमीत कमी 40 आनी चडांत चड 80 मेरेन आसचीं. निवड समितीचे सुचोवणेप्रमाण हे संख्येंत बदल जावूं येता. बालनवलिका सुमार 80 ते 100 पानांची आसची अशी अपेक्षा आसा.
6. हे येवजणेखाला छापिल्ल्या पुस्तकाच्यो 50 प्रती लेखकान अकादेमीक दिवंच्यो पडटल्यो.
7. हे येवजणेखाला मान्य जाल्ल्या पुस्तकाच्या लेखकाक प्रती वा मानधन अकादेमी दिवंची ना. अर्जदार प्रकाशक आसल्यार ते संबंदीचो वेव्हार स्वता लेखकान प्रकाशकाकडेन करचो पडटलो.
8. हे येवजणेखाला जर प्रकाशकान अर्ज केल्यार ताणें हातबरपावांगडा संबंदीत लेखकाचें छापणावळी खातीरचें मान्यतायपत्र अकादेमीक सादर करचें पडटलें.

9. गोवा कोंकणी अकादेमीकडल्यान ज्या हातबरपाक अर्थीक पालव फावो जाला ताचे छापणावळीक दुसरे खंयचेय व्यक्तीकडल्यान वा संस्थेकडल्यान अर्थीक पालव वा अनुदान घेवपाची मेकळीक आसचीना.

10. हे येवजणेखाला एका लेखकाच्या वर्साक एकाच पुस्तकाक अकादेमी अर्थीक पालव दितली.

11. अर्थीक पालव मंजूर जाल्ले तारखेसावन तीन म्हयन्या भितर पुस्तक छापून येवचे पडटलें. नाजाल्यार मंजूर जाल्लो अर्थीक पालव रद्द जातलो.

12. खंयचेय प्रक्रियेवेळार, अकादेमीच्या खंयच्याय नेमाचो अर्जदाराकडसून भंग जाला अशें अकादेमीचे नदरेक आयलें तर मान्य जाल्लो अर्थीक पालव रद्द /उणें करप वा दिल्लो अर्थीक पालव व्याजासयत वसुली करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

13. वयलो खंयचोय नेम बदलपाचो वा रद्द करपाचो अधिकार अकादेमीक आसतलो.

*************